# बिगर सरकारी संघटनांक मान्यताय दिवपाखातीर मार्गदर्शक तत्वां

ता. 07 मे 2020

बायलां आनी भुरग्यांच्या कल्याणाखातीर काम करपी बिगर सरकारी संघटनांक मान्यताय दिवपा खातीर बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयान मार्गदर्शक तत्वां अधिसूचीत केल्यात. गोंय राज्यात मुखेलपणान बायलां आनी भुरग्यांच्या कल्याणाखातीर काम करपी बिगर सरकारी संघटनांक पात्रताय अटीप्रमाण मान्यताय दिवपात येतली आनी त्याखातीर संचालनालयान गोंय बिगर सरकारी संघटनां मान्यताय समिती स्थापन केल्या. समितीन अर्ज मंजूर केले उपरांत पात्र संघटनेक मान्यताय प्रमाणपत्र दिवपात येतले. ही मान्यताय तीन वर्सांच्या काळाखातीर आसतली आनी उपरांत नुतनीकरण करचे पडटले.

ही मान्यताय आशिल्ल्या बिगर सरकारी संघटनांक वा संघटनांच्या प्रतिनिधीक कसलोच अधिकृत वा खास दर्जो आसचो ना, पुण तांका मान्यताय आशिल्ली संघटना म्हुण वळख मेळटली.

. गोंय राज्यात बायलां आनी भुरग्यांचो विकास आनी कल्याणाखातीर काम करपी बिगर सरकारी संघटनांनी मान्यताय मेळोवपा खातीर आपले अर्ज बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयात सुपुर्द करचे. मार्गदर्शक तत्वां खातीर www.dwcd.goa.gov.in ह्या संकेतथळार भेट दिवची.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/233

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA